**कला आनी संस्कृती संचालनालय आयोजीत फोटोग्राफी कार्यशाळेचे उक्तावण**

ता. 26 मे 2025

कला आनी संस्कृती संचालनालयान 10 ते 15 वर्सां पिरायेच्या भुरग्यांखातीर आयोजीत केल्ल्या पाच दिसांच्या फोटोग्राफी कला कार्यशाळेचे उक्तावण आयज संचालनालयाचे संचालक श्री. सगुण वेळीप हांचे हस्तुकीं जाले. ही कार्यशाळा संस्कृती भवनातल्या मल्टिपर्पज हॉलांत 26 ते 30 मे मेरेन सकाळी 10.00 ते दनपारां 12.00 मरेन चलतली. ह्या कार्यशाळेत सुमार 50 भुरग्यांनी वाटो घेतला.

भुरग्यांक फोटोग्राफी कलेचे मुळावे गिन्यान दिवप हो कार्यशाळेचो उद्देश आसून फोटोग्राफीची आवड आशिल्ल्या भुग्यांक फुडारांत ह्या कलेत आपले कॅरियर लेगीत घडोवपाक कार्यशाळेचो फायदो जातलो, अशें श्री. वेळीप हांणी ह्या वेळार उलयतना सांगलें.

कार्यशाळेत श्री. परितोष पै आनी रमा पै भुरग्यांक कॅमेरा वापरपाचे प्रात्यक्षिक मार्गदर्शन करतले.

कला आनी संस्कृती खात्याचे लेखा उपसंचालक श्री. राजू गावकर, सांस्कृतिक अधिकारी श्रीमती क्रांती च्यारी, श्री. परितोष पै आनी रमा पै आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

सांस्कृतिक अधिकारी श्रीमती रधिमा जोगळे हांणी कार्यावळीचें सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/487

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.